राश्ट्रीय खबरो, 7 सप्टेंबर 2026,

सांजेची 6.30 वरां.

Amit shah 145

अस्तंत विभागीय परिशदेची अठ्ठाविसावी बसका आयज  पणजेंत जाली.  केंद्रीय घर मंत्री अमित शहा हांच्या अध्यक्षते खाला  ह्या परीशदेचे आयोजन केल्ले.

ह्यावेळार परीशदेचे उपाध्यक्ष आनी गोंयचे मुखेलमंत्री डॉ प्रमोद सावंत, महाराश्टाचे मुखेलमंत्री देवेंद्र फडणवीस, गुजराताचे मुखेलमंत्री भुपेंद्र पटेल तशेंच दादरा आनी नगर हवेलीचे प्रशासक प्रफुल पटेल  हाजीर आशील्ले.

ह्या परीशदेत आंतर-राज्य सहकार, समन्वय आनी प्रादेशीक उदरगतीक चालना दिवपा खातीर अस्तंत विभागांतले उपमुखेलमंत्री, मंत्री आनी ज्येश्ठ अधिकाऱ्यांचो आसपाव आशील्लो.

ह्या परिषदेत राष्ट्रीय महत्त्वाच्या विषयांचेर लेगीत चर्चा जाली. तांतुन बायलां आनी भुरग्यांचेर जावपी अत्याचारांच्या प्रकरणांची बेगोबेग तपासणी करप, अशा प्रकरणांवीशी न्याय दीवपाक  जलदगती खासा न्यायालयांची थापणुक करप, तशेंच आपत्कालीन प्रतिसाद सहाय्य प्रणाली   लागू करप ह्या विशयांचो आस्पाव आशिल्लो.

तशेंच अन्न सुरक्षा मानकांकडे संबंदीत प्रस्न, दर एका गांवा पासून थारावीक अंतराचेर प्रत्यक्ष बँकिंग सुविधा उपलब्ध करून दिवप, पोशण, शिक्षण आनी भलायकी  आनी  वीज मळार सुधारणा घडोवन हाडप, शारी नियोजन वाडोवप आनी सहकारी वेवस्था घटमूट करप ह्या विशयांचेर चर्चा जाली.

प्रेझीडंट कलर्स पुरस्कार 120

केंद्रीय घरमंत्री अमित शहा आयज गोंय पुलिशेच्या शौर्य, सेवा , शीस्त वेवसायीताय आनी लोकांक सुरक्षीत दवरपाच्या समर्पणाच्या दिर्घ इतिहासाक मान्यताय दितना गोंय पुलिसांक प्रेझीडंट कलर्स पुरस्कार भेटयलो.

बांबोळेच्य श्यामा प्रसाद मुखर्जी स्टेडियमाचेर जाल्ले हे कार्यावळींत मुखेलमंत्री डॉ प्रमोद सावंत आनी हेर मानेस्त हाजीर आशिल्ले.

ह्या वेळार १९३० ह्या cyber fraud हेल्पलाईनीच्या गोंय पुलीशेच्या AI voice assistant यंत्रणेचो केंद्रीय घरमंत्री अमित शहा हांचें हस्तुकी शुभारंभ जालो.

ही यंत्रणा इंग्लीश भाशेसयत कोंकणी,मराठी,हींदी सयत 11 भारतीय भाशांनी उपलब्ध आसा. हेर राज्यांच्या तुळेत cyber fraud बाबतीन गोंय पुलेशेची यंत्रणा मुखार आसा अशी तुस्त मंत्री अमित शहा हांणी केली.

गोंय ल्हान पूण खुब महत्वाचें राज्य आशिल्ल्याचें मत ह्या वेळार केंद्रीय मंत्री अमित शहा हांणी ह्या वेळार उक्तायलें.

हें विशीं उलयतनां तांणी सांगलें.

पीएम 60

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी फाल्यां 8 सप्टेंबराक गुजरात आनी महाराष्ट्राचे भेटेर वतले हे भेटेंत ते दनपरां 12 वरांचेर, वडोदरांत 35 हजार कोटी रुपयां परस चड खर्चाच्या वेगवेगळ्या

उदरगतीच्या प्रकल्पांची बुन्याद घालतले तशेंच उक्तावण करून हे प्रकल्प राष्ट्राक ओंपतले. ह्या वेळार ते उपस्थितांक संबोधित करतले.

उपरांत प्रधानमंत्री मोदी फाल्यां सांजवेळा मुंबयत 'ग्लोबल फिनटेक फेस्ट - २०२६' चें म्हणजेच संवसारीक वित्तीय तंत्रगिन्यान महोत्सवाचें उक्तावण करतले आनी उपस्थितांक संबोधित करतले.

नवी दिल्ली इमारत 100

नवी दिल्लीतली सत्य निकेतन इमारत कोसळपाच्या घडणुकेंत मरण आयिल्ल्यांचो आंकडो साताचेर पावला. 'एम्स' दिल्लीने दिल्ल्या माहिती प्रमाण वट्ट १२ जाणांक हॉस्पिटलांत हाडिल्ले. तांतूतल्या स जाणांक मरण आयिल्ले आनी एकट्याक उपरांत उपचार घेता आसतनां मरण आयलें.

राष्ट्रीय राजधानींत इमारत कोसळपाची घडणूक दुर्दैवी आशिल्ल्याचे मत दिल्ली उच्च न्यायालयान उक्तायलां.

हे विशीं न्यायालयान सांगलें- दुर्घटनेक फकत इमारतीचे मालकच न्हय तर दिल्ली महानगरपालिका आनी दिल्ली विद्यापीठ लेगीत जवाबदार आसा. कारण विद्यापीठाक भायल्यान येवपी येणाऱ्या विद्यार्थ्यां खातीर रावपाची फावो ती सुविधा उपलब्द करूंक अपेस आयला आनी हे खातीर खाजगी 'पेइंग गेस्ट' (PG) निवासस्थानांचो राबितो तांका घेवचो पडटा.

हे विशीं उलयतनां दिल्लीची मुखेलमंत्री रेखा गुप्ता हांणी सांगलें.

पावस 85

भारतीय हवामान विभागान फाल्यां मेरेन बिहार, मध्य प्रदेश, उदेंत उत्तर प्रदेश, उत्तराखंड, अस्तंत बंगाल आनी ईशान्य भारताच्या कांय वाठारांनी व्हड प्रमाणांत पावस पडपाचो अदमास उक्तायला.

फाल्यां मेरेन आंध्र प्रदेश, झारखंड, ओडिशा, छत्तीसगड, तमिळनाडू ह्या राज्यांनी गडगड आनी जोगलां सयत  पावस पडटलो अशें हवामान विभागान म्हळां.  फुडल्या दोन दिसांत पुडुचेरी, कराईकल, विदर्भ, छत्तीसग, गंगेटीक अस्तंत बंगाल आनी अंदमान आनी निकोबार जुंव्यांचेरूय अशीच हवामानाची स्थिती निर्माण जावपाची शक्यताय आसा. मजगतीं, फाल्यां  मेरेन दर्यादिगेवेल्या आंध्र प्रदेश, केरळम आनी माहेचेर उश्ण आनी दमट हवामान आसतलें अशें हवामान विभागान म्हळां.

खेळ 20

राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू हांणीं नवी दिल्लीच्या राष्ट्रपती भवनांत 'ड्युरंड कप सर्त २०२६' चें 'राष्ट्रपती कप   जैतिवंक 'ईस्ट बंगाल फुटबॉल क्लब'क भेटयलें.